Aakashvwani Panaji- National Bulletin 8.40 a.m.

15 January 2025

आयज मुंबयंत आयएनएस सूरत, आयएनएस नीलगिरी आनी आयएनएस वाघशीर ह्या तीन झुजारी जहाजांच्या कमिशन सुवाळ्याक प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हाजीर रावपाचे आसात. ह्या तीन नौदल झुजाक कमिशन केल्ल्यान संरक्षण उत्पादन आनी दर्यावेल्या सुरक्षा मळार संवसारीक फुडारी जावपाचें भारताचें सपन आसा. उपरांत प्रधानमंत्री नवी मुंबयच्या खरघरांत श्री श्री राधा मदनमोहंजी देवळाचें उक्तावण करतले. इस्कॉन प्रकल्प आशिल्लें हें देवूळ णव एकर वाठारांत पातळ्ळां आनी तातूंत वैदिक शिक्षण केंद्र, प्रस्तावीत संग्रहालयां आनी सभाघर आसा.प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी आयएनएस सुरत, आयएनएस नीलगिरी, आनी पाणबुडी आयएनएस वाघशीर हीं नौदलाचीं जहाजां मुंबयच्या नौदल सुरू करतना राष्ट्राक समर्पित करतले. पी१५बी गाइडेड मिसाइल डिस्ट्रॉयर प्रकल्पाचें चवथें आनी निमाणें जहाज आयएनएस सुरत हें संवसारांतल्या सगळ्यांत व्हडल्या आनी अत्याधुनीक विध्वंसक जहाजां मदीं आसा. आयएनएस नीलगिरी हें पी१७ए स्टीलथ फ्रीगेट प्रकल्प . पी 75 स्कॉर्पीन प्रकल्पाची सवी आनी निमाणी पाणबुडी आयएनएस वाघशीर. संवसारांतल्या सगळ्यांत बहुमुखी डिझेल-विद्युत पाणबुडींतली ही एक आधुनीक विमान सुविधांनी सज्ज आशिल्ल्या नीलगिरी आनी सुरत शारांनी दिसाच्या आनी रातच्या दोनूय कार्यावळींनी चेतक, एएलएच, सी किंग, नव्यान हाडिल्ली एमएच-60आर अशीं जायतीं हेलिकॉप्टरां चलोवंक मेळटात. ह्या जहाजानी बायल अधिकारी आनी खलाशींच्या मोट्या प्रमाणांत पूरकाक आदार दिवपाखातीर विशिश्ट रावपाची सुवातय आसता. तिनूय प्लॅटफॉर्मांची रचना आनी बांदावळ पुरायपणान माझागोन डॉक शिपबिल्डर्स लिमिटेड मुंबय हांगा केल्या.

प्रयागराजांत महाकुंभ चालू आसा. काल मकर संक्रांती अमृत स्नान निमतान त्रिवेणी संगमांत तीन कोटी पन्नास लाखां वयर भक्त आनी यात्रेकरुंनी पवित्र बुडटी घेतली. इलॅक्ट्रॉनिक्स आनी म्हायती तंत्रज्ञान मंत्रालयान बहुभाषी सुलभताये खातीर भाशिणीचें एकीकरण करून महाकुंभांत तंत्रीक आदार दिला अशें कळयता.

---

सिंगापूराचे राष्ट्राध्यक्ष Tharman Shanmugaratnam भारताक पांच दिसांच्या राज्य भोंवडे खातीर नवी दिल्लीत पावले . वाणिज्य आनी उद्देग राज्यमंत्री जितीन प्रसादा हांणी काल रातीं विमानतळार तांकां येवकार दिलो. राष्ट्राध्यक्ष थर्मना वांगडा मंत्री, संसद वांगडी, अधिकारी आनी उच्च पांवड्यावेलो शिश्टमंडळ हांचो आस्पाव आशिल्लो . सिंगापूराचे अध्यक्ष म्हूण ताची ही पयली भारत भेट.राष्ट्राध्यक्ष थर्मन हे राष्ट्रपती द्रौपदी मुर्मू हांचे कडेन चर्चा करतले. प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी त्यांच्या वांगडा बसका घेतले.तशेंच विदेश वेव्हार मंत्री मंत्री डॉ.एस जयशंकर आनी हेर जायते भारतीय मानेस्त राष्ट्राध्यक्ष थर्मनाक भेट दितले.

---

उपराष्ट्रपती जगदीप धनखर आयज छत्तीसगढांतल्या बिलासपूरांत गुरू घासीदास केंद्रीय विद्यापीठाच्या इकराव्या दीक्षांत सुवाळ्याक हाजीर रावपाचे आसात.दनपारां 3.00 ते 4.00 मेरेन हो सुवाळो जातलो.ह्या निमतान राज्यपाल रमेन डेका आनी मुख्यमंत्री विष्णु देव साईय हाजीर आसतले.

---

केंद्रीय इलॅक्ट्रॉनिक्स आनी म्हायती तंत्रज्ञान मंत्री अश्विनी वैष्णव हांणी डिजिटल पर्सनल डेटा संरक्षण चौकटी विशीं सरकाराची पद्दत उक्तायल्या. कायदो आनी नेम विकसीत जावंक दिवप हो सरकाराचो मुखेल हेत अशें तांणी सांगलें. डिजिटल वैयक्तीक डेटा संरक्षण नेमाच्या मसुद्याचेर, 2025 विशीं सरकारी अधिकाऱ्यांचे आनी उद्देगधंदेचे सल्लागार बसकेचे अध्यक्षपद सांबाळून तांणी डिजिटल वैयक्तीक डेटा संरक्षण कायदो, 2023, आनी मसुदो नेम, 2025, हांचो विचार करपाची गरज आसा हाचेर भर दिलो.

फाटल्या धा वर्सांचें बरे शासन धा मुळाव्या तत्वांचेर आदारिल्ले आसा अशें केंद्रीय वाणिज्य मंत्री आनी भाजपाचे वरिश्ठ फुडारी पीयूष गोयल हांणी सांगलां.चेन्नयांतल्या एका कार्यावळींत मुखेल भाशण दितना तांणी सांगलें की प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी निर्णयाचा फुडारपणा खाला, मुळां कारणांचें विश्लेशण, परिणाम प्रधान कृती, कायद्याचें राज्य आनी पारदर्शकता, वेळा प्रमाणअंमलबजावणी, मुद्द्यांक प्राधान्य दिवप, जापसालदारकी आनी तंत्रज्ञान आपणावप, अभिनव अर्थीकीकरण आनी सगळ्या भागधारकां वांगडा भागीदारी हांच्या अंतर्गत काम करता .

---

जागतीक सिनेमाची परब मनोवपी आनी महाराष्ट्रांतल्या मराठवाडा वाठारांतल्या चित्रपट मोगीं खातीर एक आगळोच मंच दिवपी धावो अजंता वेरुल आंतरराष्ट्रीय चित्रपट महोत्सव आयज सुरू जाता. ह्या कार्यावळीचें उक्तावण म्हायती आनी प्रसारण सचीव संजय जाजू करतले. तशेंच भारतीय सिनेमांतल्या अपवादात्मक योगदानाची वळख करून दिवपी नामनेची चित्रपट व्यक्ती पद्मभूषण साई परंजपे हिका पद्मपाणी आयुश्यभर अचीवमेंट पुरस्कार भेटयतले .उक्तावण उपराांत, सिनेमा "लिटल जाफना" हो फ्रेंच आनी तमिळ भाशेचो व्हड प्रशसती मेळिल्लो सिनेमा रातच्या ९ वरांचेर दाखयतले. संवसारभरांतले उत्कृश्ट चित्रपट ह्या वाठारांतल्या प्रेक्षकां मेरेन पावोवन, एक समृध्द करपी सिनेमा अणभव दिवपाचें उतर ह्या महोत्सवांत दिला.

---

तेलंगणात राज्यांतल्या हळदी शेतकारांचें सपन बऱ्याच काळासावन साकार जालां आनी काल निजामाबादांत केंद्रीय वाणिज्य आनी उद्देग मंत्री पीयूष गोयल हांणी राष्ट्रीय हळद मंडळाचें उक्तावण केलें. आभासी रितीन तांणी मंडळ उत्पादकता सुदारप, श्रेश्ठ जाती विकसीत करप, आनी ‘गोल्डन स्पायस’ची निर्यात वाडोवपाचेर लक्ष केंद्रीत करतलें हाचेर भर दिलो. तेलंगणा आनी आंध्रप्रदेशांत हळदीची लागवड करपाची अफाट संभाव्यताय उक्तायतना मंत्री गोयल हांणी , ह्या उपक्रमाक लागून हळदी शेतकारांचें कल्याण वाडोवपाक आनी तांकां लक्ष्य आदार आनी मुळावी बांदावळ मेळटली अशे सांगलें. राष्ट्रीय हळद मंडळ तयार करपाची घोशणा सुरवेक प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हांणी 2023 वर्सा तेलंगणात जाल्ले भौशीक बसके वेळार केल्ली. फाटल्या दशकांत निजामाबाद हळदीचे दर सरासरी

स हजार रुपया दर क्विंटलाक आशिल्ले, पूण 2024 वर्सा दर क्विंटलाक 18 हजार रुपया मेरेन दर सगळ्यांत चड वाडले.

---

फाटल्या वर्सा एप्रील ते ऑक्टोबर ह्या काळांत देशांत कोळशाची आयात तीन टक्क्यां वयर देंवली, जी फाटल्या वर्साच्या ह्याच काळांत 15.4 कोटी टन वयर आशिल्ली ती 14.9 कोटी टन वयर जाल्या. कोळसो मंत्रालयान सांगलें कि , भारताच्या नेटान वाडपी अर्थवेवस्थेक आदार दिवपाक भारताच्या कोळसो क्षेत्राची म्हत्वाची भुमिका आसा.मंत्रालयान सांगलें कि , देशांतल्या साठ्यांतल्यान कोळशाची मागणी पुराय करपाक देशाक अंतर आसा, खास करून कोकिंग कोळसो आनी उच्च दर्ज्याच्या थर्मल कोळशा खातीर, फावो त्या प्रमाणांत मेळना. ताका लागून तिख्या उत्पादन सारक्या गंभीर उद्देगांक आदार दिवपाखातीर कोळशाची आयात करप गरजेचें आसा. मंत्रालयान सांगलें कि , सरकार देशी उत्पादन वाडोवपा खातीर आनी कोळशाची स्थिर पुरवण सुनिश्चीत करपा खातीर जायते रणनिती उपाय चालीक लावपाचें काम चालूच दवरता. ह्या यत्नांचे हेतू भारताचें कोळशाच्या आयातीचेर आदारून रावप उणें करपाचोच न्हय तर देशाची उर्जा सुरक्षा घटमूट करपाचोय आसा.

---

भारतीय हवामान खात्यान आयज पंजाब, हरियाणा, चंडीगढ, दिल्ली, आनी अस्तंत उत्तर प्रदेशात वीज पडपा वांगडा गडगडाटाचो अदमासउक्तायला . तशेंच फुडले दोन दीस उत्तराखंड आनी हिमाचल प्रदेशात पावस वा बर्फ पडपाचो अदमास उक्तायला . भारतीय हवामान खात्ययाचा म्हणण्या प्रमाण पंजाब, हरियाणा, बिहार, झारखंड, ओडिशा, उपहिमालय अस्तंत बंगाल, सिक्किम, आनी देशांतल्या ईशान्य वाठारांनी आयज रातीं आनी सकाळीं दाट धुकें जावपाची शक्यताय आसा. फुडल्या 3 दिसांत मध्य भारत आनी महाराष्ट्रात उण्यांत उणें तापमान 2 ते 3 अंश सेल्सियस वाडपाची शक्यताय आसा.हवामान खात्यान नुस्तेमारांक आयज मन्नाराच्या आखातांत आनी लागसारच्या कोमोरीन वाठारांत वचचे न्हय असो सल्लो दिला.

---